# एलईडी लायट नुस्तेमारी कार्यशाळेचे उक्तावण

ता. 4 ऑक्टोबर 2017

12 आश्विन 1939

नगर नियोजन आनी शेतकीमंत्री श्री. विजय सरदेसाय हांणी आयज सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात उदकस्त्रोत आनी नुस्तेमारीमंत्री श्री. विनोद पालयेकर हांच्या उपस्थितीत एलईडी लायट नुस्तेमारी कार्यशाळेचे उक्तावण केले.

हया वेळार नुस्तेमारी खात्याचे सचिव श्री. गोविंद जयस्वाल, केंद्रीय नुस्तेमारी उदरगत विभागाचे जोड सचिव श्री. पी. पालॅ पांडियन, मोलुस्कन फिशरीज विभागाचे डॉ. सुनिल महम्मद हाजिर आशिल्ले.

शेतकीमंत्री श्री.विजय सरदेसाई हांणी गोंयच्या हद्दीतल्या दर्यात येवन नुस्तेमारी करपी गोंयाभायल्या नुस्तेमारी बोटीची सरकारान दखल घेतिल्ली आसून अशा ट्रॉलराआड सरकार योग्य कारवाय करतले अशे सांगले.

नुस्तेमारीमंत्री श्री. पालयेकार हांणी गोंयच्या नुस्तेमारी वेवसायिकांक प्रोत्साहन दिवन राज्यातले नुस्त्याचे उत्पादन वाडोवपाखातीर सरकारावतीन यत्न करतात अशे सांगले.

कार्यशाळेत एलईडी लायट आनी बूल ट्रॉलर नुस्तेमारीचेर भासाभास जाली.

नुस्तेमारी खात्याचे उपसंचालक डॉ. स्मिता मजूमदार हांणी कार्यशाळेत सहभागी जाल्ल्याक येवकार दिलो आनी निमणे उपकार मानले.